**प्री-मॅट्रीक आनी पोस्ट- मॅट्रीक शिश्यवृत्ती खातीर अर्ज मागयल्यात**

ता. 2 नोव्हेंबर 2023

समाज कल्याण संचालनालयान केंद्र/राज्य पुरस्कृत शिश्यवृत्ती येवजणो-2023-24 आर्थिक वर्सा खातीर ऑनलायन अर्ज मागयल्यात. समाज कल्याण संचालनालया वतीन अनुसुचीत जाती आनी हेर मागास वर्ग समाजातल्या विद्याथ्यॉ खातीर प्री-मॅट्रीक, पोस्ट-मॅट्रीक शिश्यवृत्ती येवजण आनी आर्थिक मागास वर्गांतल्या विद्याथ्यॉ खातीर डॉ. आंबेडकर पोस्ट मॅट्रीक शिश्यवृत्ती ह्या केंद्र पुरस्कृत येवजणांची अंमलवजावणी करपात येता.

तशेंच शालांत आनी उच्च माध्यमिक मंडळांच्या परिक्षेत उच्च गुणवत्ता मेळयिल्ल्या एससी आनी धनगर समाजाच्या विद्याथ्यॉक गुणवत्ता आदारीत पुरस्कार येवजण, गगन भरारी शिक्षा येवजण, होम नर्सिंग अभ्यासक्रम शिक्षण घेवपी एससी विद्याथ्यॉखातीर कन्या धन येवजण, दिव्यांग विद्याथ्यॉखातीर विद्यावेतन येवजण, एससी/ओबीसी विद्याथ्यॉखातीर (पाचवी ते सातवी) सरल विद्या सहाय्य येवजणेची अंमलबजावणी करपात येता.

शिश्यवृत्ती खातीर अर्ज करपाक विद्याथ्यॉनी https://cmscholarship.goa.gov.in चेर भेट दिवची. विद्याथ्यॉनी आवश्यक दाखल्या सयत 15 डिसेंबर 2023 मेरेन अर्ज अपलोड करपाक जाय. सगळ्यां शाळां/संस्थां/महाविद्यालयांनी विद्याथ्यॉच्या ऑनलायन अर्जांची तपासणी करून ता. 31 डिसेंबर 2023 मेरेन सुपुर्द करपाक जाय.

अर्ज अपलोड करपाक कसलीय तांत्रिक मदत जाय आसल्यार शाळां/संस्थां/महाविद्यालयांनी 9423883386 ह्या मोबायल नंबरा वयल्यान तांत्रिक अधिकाऱ्याकडेन संपर्क करचो.

म्हा /सप/ प्रना/ विगां/ 2023/858

--
-----------------------------------------------------------------------------------------

Issued by the Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity, Government of Goa,

Udyog Bhavan, Third Floor,

Near Azad Maidan,

Panaji – Goa.